म्हज्या पावलांच्यो कुरवो...

युगा आडारकर



• म्हज्या पावलांच्यो कुरवो...	**MAZA PAVLANCHO KURVO...**
युगा आडारकार	Yauga Adarkar

• ©युगा आडारकार	© Yauga Adarkar

• पयली उजवाडावणी :2012	**First Edition** : 2012
• **उजवाडावपी :**	**Publisher :**
हिरेयूग प्रकाशन	Hireyug Prakashan
पणजी – गोंय	Panaji - Goa
• **छापपी :**	**Printer :**
हिरू नारायण नायक	Hiru Narayan Nayak
ऋतू ऑफसेट	Rutu Offset
वळवय, फोर्डें–गोंय	Volvai, Ponda-Goa
• **मुखचित्र आनी रेखाचित्रां :**	**Cover & Sketches :**
सिया पंडित	Seeya Pandit
• **मोल** : रु. 40/-	**Price : Rs. 40/-**

"हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या बालसाहित्य आर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां."

तुजी याद
काळजाचे शिंपयेत
तुजे आशिर्वाद
घाल म्हजे होटयेंत
बादून दिदीक
तुजेच युदा. (युगा)

• म्हज्या पावलांच्यो कुरवो... **MAZA PAVLANCHO KURVO...**

युगा आडारकार Yauga Adarkar

• ©युगा आडारकार © Yauga Adarkar

• पयली उजवाडावणी :2012 **First Edition** : 2012

• उजवाडावपी : **Publisher :**

हिरेयूग प्रकाशन Hireyug Prakashan

पणजी – गोंय Panaji - Goa

• छापपी : **Printer :**

हिरू नारायण नायक Hiru Narayan Nayak

ऋतू ऑफसेट Rutu Offset

वळवय, फोडें–गोंय Volvai, Ponda-Goa

• मुखचित्र आनी रेखाचित्रां : **Cover & Sketches :**

सिया पंडित Seeya Pandit

• मोल : रु. 40/- **Price : Rs. 40/-**

"हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या बालसाहित्य आर्थीक पालव येवजणेखाला छापलां."

तुजी याद

काळजाचे शिंपयेत

तुजे आशिर्वाद

घाल म्हजे होटयेंत

बादून दिदीक

तुजेच युदा. (युगा)

शाब्बास युगा!

तुजो हिमालयन ट्रॅकिंगाचो ग्रेट अणभव... शाब्बास! इतले ल्हान पिरायेंत तूं हिमालयाच्या आंगाखांदार भोंवलें. एक व्हड धाडस. हें धाडस तुका तुज्या मम्मा - डाडा कडल्यान मेळ्ळां जातलेंच, पूण तुवें स्वता हिमालयांतले उंच दोंगर, निसरड्यो देंवत्यो - घळयो चडपांत - देंवपांत, भोंवपांत जिवा वयलें आनी उर्बेभरीत साहस केलां. ते भायर तुज्या ट्रॅकिंगांतलें आनी वेगवेगळ्या प्रवासांतले अणभव बरोवन तुवें ताचेय फुडलें आनी उंचाये वयले पावल निश्चीतच घालां. खूब जाण भोंवडी करतात पूण हाताबोटार मेजपी कांय थोडे आनी जाणविकाय आशिल्ले लेखक आपलें खाशेलें प्रवासवर्णन दुसऱ्यां खातीर बरोवन दवरतात. तातूंत ते त्या त्या थळा वांगडा आपल्या व्यक्तिमत्वाचेंय पडबिंब पळयतात. तशेच थळ, काळ आनी विचाराच्याय रंगान रंगयतात.

तुज्या भुरगेपणांतच तुवें 'देवा, वण्टीक म्हजे कडेक उलोवंक शिकय.' ही वण्टीक लेगीत उलोवपाक लावपी कविता बरोवन सगल्यांचें लक्ष तुजे वटेन ओडलें. आतां तर ह्या पुस्तकांतल्यो तुज्यो चार भोंवड्यो आपूण जावन तुज्या तोंडांतल्यान उत्स्फूर्त आनी धडधडीत उलयतात. सुरवातीची सिद्धनाथ दोंगरावयली पांयभोंवडी वाचतना जाणवता - तूं सगल्यां मदीं रावनय आपूण अलीप्त रावपाचो तशेंच आपल्या विशयांत तद्रूप जावपाचो गूण तुज्यांत बळटा. तेंच वांगडा पुराय लिखाणांत तुजो मैत्रीपूर्ण स्वभाव दिसता. ताका लागून तुजे व्यक्तीमत्व आनी बालसुलभ मन परत परत झळकता. तूं तर बरयतना आपल्या ल्हान ल्हान वाक्यांनी, सोपे भाशेंत आनी शैलींत बरयता हाका लागून तें एके बाललेखिकेन बरयलेंच 'बालसाहित्य' जालां.

प्रवासवर्णनांत थळाव्या वर्णना वांगडा लेखिकेचें मन आनी व्यक्तीमत्व दिसत तर तें अदीक ललीत जाता. तेंय हांगा घडलां. ट्रॅकिंगात आपल्या शेणिल्ल्या

पयश्यांची तशेंच मम्माची याद येवप, तंबूंत न्हिदिल्ले कडेन सपनांत मम्मा मम्मा म्हणून इश्टिणीक वेंग मारप, रसगुल्ला खातना हेरांक दाखोवन चाळयत खावप आदी. तशेंच हैदराबादचे सफरींत नळा पोंदां हात धरतकच आपशींच उदक येता तें पळयतकच - देवबाप्पा फकत पुण्यवान लोकांक नळा पोंदां हात दवरतकच तीर्थ पिवपाक दिता, अशी जादूई कल्पना. तांतूतल्यान चड सोबितकाय आयल्या. तशेंच नाशिकाचे भोंवडेंत वराह रुपांतलो श्रीविष्णूचो अवतार पळोवन आपले आजयेन सांगिल्ली काणी याद जावप आनी मागीर ती काणी परत आपल्या इश्टिणीक सांगप हाका स्वताचें आनी काळाचें अशें खाशेलेपण येवन वातावरण अदीक फूल कशें फुलता.

बोगदे येतकच भुतांचे आवाज काडप, मम्माच्या पोटाक पळोवन कविता सुचप, वण्टीक कान लावन आयकुवप अश्या वर्णनातल्यान निखळ बालस्वभाव भावता. ह्या पुस्तकांत फुडें फुडें बरोवपाचो विकास जायत गेला ही बरी गजाल. झाड बरें वाडल्यारच तें बरीं फुलांफळां दिता.

हैदराबादचे भोंवडेंत तुजो भाव शेणिल्ल्याचो प्रसंग तर मनाक स्पर्श करता. मुखेली मायाताईचें व्यक्तीमत्व बरें रेखाटलां. तशेंच फिल्म सिटीचें वर्णन गूढरम्य जालां. ट्रॅकींग करतना रिनगन थॅच हांगा नजो जाल्ले, तरी तूं हांवेसान वयर चडटना तुकां निमाणें पडूंक जावपाक लागलें ती घडणूक, गाऱ्याच्या पावसांत देंवतेर निसरून पडप आनी उठपाक जावप ना अशे प्रसंग वाचप्याक थरथरायता.

बाय युगा, तूं तुज्या भोंवड्यांनी आनी चड करून ट्रॅकिंगाच्या अणभवान समृद्ध जालां. हे अणभव तशेच तुज्या मनांत ताजे टटटटीत उरल्यार आनी परत परत घोळयल्यार फुडल्या जिवितांत ते तुका सदांच स्फूर्त दितले आनी तांकां काळाच्या झोतीनी लकाकी मेळटली. तुज्या जिवितांत तुज्या स्वभावाक आनी धाडसाक लागून नवें नवें जिवीत पळोवपाक मेळटलें आनी तातूंतले अणभव तुजे कडेन उलोवंक, हांसूंक आनी किटकिटूंक लागतले.

- तुकाराम शेट

मनोगत

'सगळ्यांचीं येतात तशें म्हजेंय एक दीस पुस्तक येतलेंच.' म्हजें ल्हानुलें मन केन्ना पसून हें सपन येवजितालें. हांव ल्हान आसतनाच कविता बडबडटालें (अशी मम्मा म्हणटा) म्हजी ही बडबड मम्मान चोपडेंत बरोवनूय दवरिल्ल्यो, त्यो हांवें वाचूंक येतकच वाचल्यो. मागीर हांवूय कितें कितें बरोवंक लागलें.

म्हजी ही कला फुलपाक म्हाका मजत केली त्या सगळ्या टिचरींचे हांव उपकार मानतां. विद्याभुवन कोंकणी शाळेंतल्यो सगळ्यो ताई, कांदेलारिया हायस्कुलाची मधुबाला मिस, हेलन मिस, पिपल्स हायस्कुलांतली कांचन मिस, कोंकणी शिकोवपी मिस आनी बादून दिदीची टिचर बोरकार टिचर ह्या सगळ्यांनी म्हजी कोंकणी सुदारपाक म्हाका आदार दिलो.

म्हाका भोंवडी करपाक खूब आवडटा आनी म्हजे भोंवडेंतल्यो गजा- ली कोणाकूय तोंडान सांगचे परस त्यो बरोवन दवरपाक खूब आवडटा. कारण कोणाकूय सांगतना त्या गजालींनी सत्या परस तिखट - मीठ लावन सांगप जाता. बरयतना मात अशें जायना. सत्य आपशींच बरोवप जाता.

सुनापरान्ताच्या चवथ अंका खातीर म्हजे कडेन लेख मागलो तेन्ना हांवें उमेदीन म्हज्या पयल्या ट्रॅका विशीं बरोवन तो दिलो. जायत्या जाणांनी लेख वाचून कवतूक केलें. म्हाका खूब उमेद जाली. मागीर हांवें चवथेक आसतना हैदराबादाक गेल्ले तेन्ना कितें याद जाता तें बरोवन काडलें. आठवे-णवेक आसतना हिमालयन ट्रॅक केल्लो तेंवूय बरोवन काडलें, नाशिकेच्या ट्रॅकिंगाचे अणभव बरोवन काडले.

म्हज्या पुस्तकाच्या सपनाक आकार दिवपा खातीर गोवा कोंकणी अकादेमीन म्हाका आदार केलो त्या खातीर हांव गोवा कोंकणी अकादेमीचें उपकारी आसां.

म्हजी अपुरबाय करपी तुकाराम सराचेंय हांव उपकारी. म्हजें बादून दिदी, हिरण्येश, डाडा हांणी म्हजें हें बरयिल्लें वाचून दाखयतनाची बडबड आयकुपाक आपलो वेळ दिलो म्हणून तांचेय उपकार मानतां.

हें पयलें पुस्तक ज्या मनशा खातीर घडलां, जिणें म्हाका खूब प्रोत्साहीत केलां, ती म्हजी गुरु, हांव तिचें शिश्य, त्या म्हज्या मम्माक, सगळ्यांच्या नयना आडारकाराक म्हजें नमन!!!

आशा करतां तुमकां सगळ्यांक म्हजें पुस्तक आवडटलें.

- युगा आडारकार

मांडावळ

1. म्हजो पयलोच ट्रॅक 09

2. हैदराबादाची भोंवडी 11

3. नाशिकाची भोंवडी 25

4. म्हजें हिमालयन ट्रॅकिंग 28

1. म्हजो पयलोच ट्रॅक

7 जूनाक म्हाका अनिल सरान सांगलें, वाघेरी, सिद्ध पर्वताचेर ट्रॅकिंग आसा. हांवें पयलींच हयकार दिलो. रोखडेंच बॅग भरपाक बसलें. तातूंत एक नारंगी रंगाचो रेनकोट, दोन शर्ट आनी पॅण्ट तशेंच जेवण. मम्मान चिकनाचो रोस आनी पुलाव दिल्लो. हो म्हजो पयलोच ट्रॅक. हांव पयलीं केन्नाच न्हय इतलें उमेदीन आशिल्लें. 8 जून उदेलो. तयारी पयलींच करून दवरिल्ली. मारलें बॅग खांदार, डाडाक सांगलें, पावय म्हाका हिरा पेट्रोलपंपाचेर. वांगडा हिरण्येशूय गेल्लो. आमी दोगांय थंय पावलीं. सगळ्यांनी हिरण्येशाचो जयजयकार केलो. म्हजो केलोना. म्हाका वायट दिसलें. हांव खुबूच जळ्ळें तांचेर. सगळीं जाणां बशींत बसलीं. तेन्ना मात एकल्यानूच म्हाका विचारलें, "What is your name?" हांवें सांगलें, ''युगा''. तो म्हणूंक लागलो ''रेणुका''. मागीर ताका जमलें. ताचें नांव खंय चंदू.

ताची आनी म्हजी इश्टागत पयलींच जाली. बस वतां वतां मडगांवां थांबली. थंय एक तांबो म्हूण णववेंत शिकपी भुरगो वयर चडलो. ताचोय जयजयकार जालो बस परत चालू जाली. आमी अर्द वाटेर किर्ते खावपाक म्हणून केप्यां देंवलीं. थंय एक बरें हॉटेल आशिल्लें. त्या हॉटेलांत आमी सामोसां खाले आनी दोन कोक पियेलीं. जिवाक मातशी थाकाय मेळ्ळी. बशींत बसलीं. तेन्ना म्हजेकडेन कांय जाणांची वळख झाली. म्हणचे, मुखेली. कांय इश्टिणी, तरी पूण हांव एकलेंच आसा कशें दिसतालें.

निमाणें आमी पावलीं. थंय वाटेर तान लागली जाल्यार उदकाची बाटली दिल्ली. ती हांवें हिरण्येशाक दिल्ली.

सिद्ध पर्वत एक अणभव. तो पळोवन हांव पिशेंच जालें. थोडो वेळ ताची तोखणाय करपाक उरलें आनी मागीर ल्हानशें लिंग आशिल्लें थंय पांयां पडूंक गेलें. रोखडोच आमचो फोटो बी काडलो आनी सकयल देंवपाचें आमंत्रण दिलें.

देंवतना मजाच आशिल्ली. कोण थकूंक ना, कोण बसूंक ना. आमी वांगडा पांच जाणां आसलीं. देंवतां देंवतां निसरतालीं. एकदा हांव निसरलें. कांय जावंक ना. हांसूंक लागलें. चलतां चलतां आनीक एकदां पडलें. आनीक एकलो पडलो. हांसून मुड्डो जालो. निमाणें एके इश्टिणीन म्हाका आदार दिलो. हांव इतलें घामाघून जालें. तेन्नाच पावस पडूंक लागलो. आमी पाविल्लीं. सगळीं बेगीन बेगीन बशींत बसलीं. हांवें निश्चेव केलो. पावसांत भिजपाचें, खऱ्यांनीच हांव माथ्यार भिजून आयलें. भायर उरिल्लीं भुरगीं बशींत बसलीं. आमकां पळोवंक आनी जेवंक साळावली धरणाचेर व्हेलीं. काय बरें दिसतालें! तोखणाय करीन दिसतालें. परतें हांव पडलें. हांवे जेवण सांडलें आनी एका सुण्याक दिलें. सगल्यांचे जेवन जातकच सगलीं वयर पळोवंक गेलीं. सुंदर शेतां पिकिल्लीं. बरो आकार दिल्लो. थंय म्हाका खूब फोन आयले, कारण थंय नॅटवर्क मेळटालो. आतांच फोन? हांवें मनांत म्हणलें. धरण पळयतकच आमी सकयल देंवलीं आनी भोंवपाक गेलीं. मागीर आमी डॉग ॲण्ड बोन खेळ खेळ्ळीं. पयलीं आमी जिखलीं. मागीरच्या खेळांत हांव नाशिल्लें. ट्रॅकिंग थंय सोपपाक पावले. बशींत आमी मागीर साँग फाँग म्हणलें. तितली व्हडली मजा आयली ना. अर्द वाटेर म्हाका न्हीद लागली. हिरा पॅत्राल पंपार केन्ना पावलीं कळ्ळेंच ना. सगल्यांनी एकमेकांक गूड बाय केलें. इतल्यात डाडा आयलो. दुसऱ्या दिसा स्कूल आशिल्लें. दुसरे फावटी म्हाका ट्रॅकिंगाक धाडचें म्हूण हांवें स्कूल चुकयलें ना.

2. हैदराबादाची भोंवडी

2004-2005 चें वर्स. हांव अवर लेडी ऑफ कांदेलारिया हायस्कूलांत चवथे यत्तेंत शिकतालें. आमचें गॅदरींग लागीं पाविल्लें, म्हणून म्हाका टिचरीन विचारलें, 'युगा, तूं कित्यांत वांटो घेतलें? डान्स काय ड्रामा?' हांवें सांगलें, ''मिस, मम्माक विचारून सांगतां. हांवें म्हजी मम्मी म्हजी धनीण आशिल्लेवरी सांगलें. शाळा सुटली. पूण आमकां घरा पावपाची घाईच नासली. वाटभर आपल्यो गजाली.गॅदरिंगाक कितें करुया आनी कितें नाका. घरा पावलें. बरें उमेदीन मम्माक सांगलें. पूण मम्मान फट्ट करून म्हणलें, ''गॅदरिंगाक वांटो घेवंक मेळचोना, आमी तेन्ना हैदराबादाक वतात''. जालें, गॅदरिंगाचो बोमाडो ठो करून फुटलो. म्हाका मम्माचो राग आयलो. हांव गॅदरिंगाक ना म्हणून तेवटेन म्हजी टिचरूय बेजार आसली. म्हज्या इश्टिणींनी म्हाका कितलें समजावपाचो यत्न केलो. तीं म्हाका माईगेर (म्हजे आजयेगेर) राव म्हणून सांगतालीं. कोण म्हणटा, ''युगा, आमी नाच करूया'' दर्शना म्हणटा : नाटकुलें करुया, धनश्री म्हणटा, आपउलोवप करूया. पूण हांव मम्माक ना म्हणपाक शकतां? ती आपलें तेंच खरें करपी. आनी तिच्या फाटल्यान हिरण्येश म्हजो भावूय. मागीर कितें? हांव बाबडें कितें करतलें? शेंपडी कशी हय म्हणचें पडलें.

हय, ती फांतोड हांव कशें विसरन. सकाळीं साताची गाडी धरपाक

जाय आसली. म्हणून मम्मान आमकां पांचाकूय उठोवन न्हेसयिल्लें. अशें दिसतालें की डाडाचो कावळो काका, चिमणी मामी सगळीं उठल्यां आनी दिलीप काकाची टॅम्पो सकयल येवन रावल्या. मागीर आमची तिगांयची पोटली रस्त्यार पावली. बॅग मम्माच्या खांदार, धरलां आमी दोगांयनी तिच्या हाताक आनी रावल्यांत आपलीं रिक्षाक. पूण मम्मान सांगिल्ली रिक्षा येवकूच ना. जावं सायबा, एक रिक्षा दिसली. पूण ती प्रायव्हेट रिक्षा. पूण तो रिक्षा ड्रायव्हर बरो मनीस. माईचो शेजारी खंय. ताणें पावयलें आमकां स्टेशनार. आनी पयशे लेगीत घेतले नात. आमकां तो देव मनीस सो दिसलो.

वास्को स्टेशनार येवन ट्रेनींत बसलीं. मडगांव मायाताई, अनिल मावसो, मोहित, नूतन मावशी, तिचो भावोजी आनी भयण, निलाताई, तांचो चलो, किरणताई आनी योगिनीदिदी आशिल्लीं. पूण आमीच खूब पयसुल्ल्या डब्यांत आसलीं. मम्मा मडगांव स्टेशनार खावपाक घेवपाक सोदी.पूण मायाताईन आडायलें आनी म्हणलें, ''गाडयेंत खूब खावपाक येता'' पळयल्यार फुस्स. कितलो वेळ कांयच खावपाक आयलें ना. पोटाक सामकी भूक लागिल्ली. मनांतल्या मनांत मायाताईचेर रागूय काडलो हांवें. तरी नूतन मावशेन इल्लें खावपाक दिल्लें म्हणून बरें जालें. नाजाल्यार म्हजे असली चिमणी पें करून रडपाची आसली. वाटेर हांवें, हिरण्येशान आनी मोहितान मात खूब मजा केली.

म्हज्या मम्माची काकूळट ते रातीं. न्हिदूकच नासली खंय ती. कारण हिरण्येश मदल्या बर्थार आनी हांव सकयल्या बर्थार न्हिदिल्लीं.सकयल पडत जाल्यार? अशें येवजून ती पलतडच्या बर्थार न्हिदिल्ले भशेन आमकां पळयत आशिल्ली. म्हाका ट्रेनींत फकत एकूच भंय दिसतालो. कोणूय उखलून व्हरत जाल्यार? आनी तो भंय काडून उडोवंक थंय मम्मा आसली. जागरण काडलां तें तिणें.

एकदांची सकाळ जाली. मागीर मातशी न्हिदली बाबडी. परत म्हजी,

हिरण्येश आनी मोहिताची मस्ती सुरू. सांजवेळा आमी हैदराबाद पावलीं. आमकां सामकें पुरो जाल्लें. मायाताईन पटापट रिक्षा आडायल्यो. म्हाका तेन्ना ती अशे हात करीत मोटारींक बी रावपाची ऑर्डर दिवपी ट्रॅफिक पुलीस कशी दिसली. रिक्षा थांबता तशीं सगळीं सडसडीत रिक्षेंत वचून बसलीं. आनी सगळीं पावलीं एकदांचीं आमकां रावपाक दिल्ल्या हॉटेलाचेर. थंय एका रूमांत मायाताईचो पंगड आनी आमचो पंगड आनी बाकीच्या रूमांनी बाकीच्यांचो पंगड. ते रातीं हॉटेलार जेवन आमी बरीं सुस्त न्हिदलीं.

सकाळीं हांव जागें जालें तेंच मायाताईच्या आवाज़ान. उठा उठा करून सगळ्यांक उठयत आसली. एकएकट्याक उठोवन बाथरुमांत धांवडायताली. बेगीन बेगीन न्हेसपाक फाटीक लागताली. न्हेसलीं बाबा एकदांची आनी अखिल भारतीय कवीसंमेलनाचो मुखेल हॉल आशिल्लो थंय गेलीं. थंय म्हजी वळख त्या कवीसंमेलन संस्थेचे संस्थापक डॉ. लारीकडेन करून दितना मम्मान म्हणलें, ''और यह कविता भी करती है। मम्मान म्हजें कवतूक केलें म्हणून हांसूंक आयलें आनी ख़ूब बरेंय दिसलें.

मागीर अख्खो दीस कवितांची कार्यावळ. कन्नड बी कविता चलताल्यो. पूण आमचें लक्ष नासलें थंय. आमचें म्हणल्यार मोहित, हांव आनी हिरण्येशाचें. आमी आपलीं परतीं परतीं भायर वचून बटाट्याचीं भजीं खावन येतालीं. म्हाका याद जाता. कोणेंतरी म्हाका विचारिल्लें, ''हमारी कविता समझी कन्नड में?'' म्हाका कळूंकच ना अशें खरें सांगपाचीं संवय नाशिल्ली म्हणून ओग्गी हांसून मान हालयली. त्या दिसा सांजेचीं आमी गोलकोंडा फोर्ट पळोवंक गेल्लीं. मायाताई बरी तुरूतुरू करून चलता आनी आमी धांवतात आपली फाटल्यान. जशीं ट्रॅकाक वतकच मुखेली 'फॉलोव मी' म्हणटा पळय तशें. पूण नूतन मावशी बी मात सामकीं मुये भशेन, सामकी ल्हवू-ल्हवू चलताली. आमकां

मेळिल्लो गायड मात बरो. म्हाका तो कितें सांगता तें कळनासलें. पूण मायाताई, मम्मा बी म्हणटालीं म्हूण हांव म्हणटा. पूण तो नाटकांतलें भशेन मान बागोवन, हात हालोवन सांगतालो तें खूब आवडलें. आमी मातशीं उसरां पाविल्लीं आनी फाटल्यान येता ताका राव करीत चलिल्ल्यान सगळो फोर्ट पळोवंक मेळ्ळो ना. गोलकोंडा फोर्टांतली ती सकयल ताळयो मारतकच वयर आयकूंक येता ती वेवस्था म्हाका खूब आवडली. आमी मडगांवां तिसरे माळयेर रावतालीं. दनपारचीं दिलीपकाकाच्या टेम्पोंतल्यान देंवतकच दिसतालें. हांवें सकयल ताळयो मारच्यो आनी मम्मान हांव आयलां तें वळखून सकयल येवन म्हजें बॅग व्हरचें. पूण तशें जावपाक पडलां चडूच. वण्टीक कान लावन आयकुपाचें तर म्हाका, मोहिताक आनी हिरण्येशाक पिशेंच लागलें. एकट्यान एके वण्टीक तोंड करून ल्हवू आवाजांत कितेंय उलोवचे आनी दुसऱ्यान दुसरे वण्टीक कान लावन तें आयकुचें. वा! वा! त्या राजाची टेलिफोनाची आयडिया म्हाका खूब आवडली. दुस्मानाचें उलोवणें आयकुपाक केल्ली खंय ताणें ही आयडिया.

थंय एक टॉयलेट आसा. पयलींच्या तेंपार दुस्मान येतकच खंय राजाच्यो बायलो-भुरगीं बी त्या टॉयलेटांतल्यान आशिल्ले होंवरेंतल्यान चारमिनाराकडेन वताली आनी थंयच्यान सुखरूप जाग्यार पावतालीं. त्या राजाक बायलो म्हणून कितल्यो? तिनशें पासश्ट तांकां रावपाच्यो तितल्योच कुडी. आनीकय वयर वचपाचीं आसलीं. पूण काळोख जालो म्हूण आमकां परतुचें पडलें.

थंयच्यान परतताना मजाच जाली. सकयल एक पे टॉयलेट आसलें. थंय आमी पयलेच फावट हात सुकोवपाचें मशीन आनी नळा पोंदा हात धरतकच आपशींच उदक येता तें पळल्लें. आमी परतीं परतीं नळा पोंदां धावतालीं. सगळ्यांक तें जादवाचें मशीन कशें दिसलें पूण म्हज्या मनांत मात वेगळोच विचार घोळटालो. म्हाका दिसलें की देवबाप्पा

फकत पुण्यवान लोकांक नळा पोदां हात दवरतकच तीर्थ पिवपाक दिता म्हूण.

थंय जेवण मेळटालें तें मात सामकें पचकें. मायाताई मात कृष्णाची भयण आशिल्लेवरी ताकान जेवताली. आमी आपलीं मम्मा भशेन ताकाची दुस्मान खरीं तरीय नाईलाजान जेवतालीं. सकाळीं च्या मात बरी मेळटाली. म्हणून सूख आसलें.

दुसऱ्या दिसा कवीसंमेलनांत गोंयच्या कवयित्रींनी कविता म्हणल्यो. त्या दिसा म्हज्या आयुश्यांत म्हजे कवितेचें पयलेच खेपे सादरीकरण करपाची संद मेळ्ळी. हांवें "चांदीमामा तुका कितें जाय?" ही कविता म्हणली. ती म्हणली आनी एक अप्रूप घडलें. भारतांतले एके नामनेचे कवयित्रीन माचयेर येवन म्हज्या पोल्यार पापी दिली ती दिलीच, वांगडा एक अतिसुंदर बुके दिलो. फुलांची व्हडलीशी आवड नाशिल्ली तरी तिणें तो मोगान दिलो, म्हजी अपुरबाय करूंक दिलो म्हणून खूब खोस भोगली. ती याद आतां आयली म्हणटकच म्हाका सातवेक आसतना आमचे शहनाझ मॅडमीन त्याच पोल्यार म्हज्या वाडदिसा दिसा पापी दिल्ली तिवूय याद जाली. म्हज्या इश्टिणींनी तेन्ना जळत म्हणिल्लें, "हय गो, तूं बाये खूब लकी. तुका तेन्नाय कवयित्रीन पापी दिल्ली खंय आनी आतां टिचरीन. वा! तुजी मजा!" आनी हातांनी म्हजे फाटीचेर थापटां मारिल्ली तिवूय याद जातली. त्या वेळार ते कवयित्रीन म्हाका बुके दितना फोटो काडिल्लो. पूण फोटोग्राफराकडेन मागलो तेन्ना तो गायब जाल्लो. घडये तो ते कवयित्रीन व्हेलो आसुंयेत. तशें जाल्यार तिका मात तो प्रसंग आनी हांव सदांचेंच याद उरतली. पूण म्हाका मात तिचें तोंड लेगीत याद उरूंक ना. कांय कवीनी म्हजी तोखणाय लेगीत केली. बरें दिसलें. आनी तेन्नाच म्हाका म्हज्या इश्टिणींची याद जावपाक लागली. "याद आ रही है..." हय म्हाका म्हज्या इश्टिणींची याद जाल्ली कारण त्या दिसा म्हजे शाळेचे गॅदरींग आशिल्लें. हांव मागीर गॅदरिंगाच्या सपनांत

रंगलें. मागीर दनपरा एक मिटिंग सुरू जाली. कुंभकर्णाची न्हीद कशी ती मिटिंग. सोपन सोंपना. आमच्या असल्या सानुल्यां भुरग्यां खातीर असली मिटिंग कोंताक येता? म्हजो आनी हिरण्येशाचो सभाव नकळो एकामेकांची कळ काडत रावलीं आनी मम्माक मिटिंगेंतली पचकीं भाशणां आयकूंकच दिवंनात.

एकदांची मिटिंग सोंपली आनी सूऽऽ जालें. हॉलांतल्यान भायर सरलीं जाल्यार हिरण्येशूच ना. सगळ्याक सोदलो. निमाणें मोहितान सांगलें, हिरण्येश टॉयलेटींत गेला म्हणून. पयलीं हांवें आनी मोहितान तेवटेन पासय मारली आनी खाली हात हालयत आयलीं. मम्माचेर आकांत. सोमती मम्मा थंय गेली. पळयल्यार दाराचेरूच दोन-तीन बायलो बसल्यात.

मम्मान प्रस्न केलो, "अंदर कोई बच्चा है क्या?" तांणी ना म्हणलें. पूण तेन्नाच देव पावलो. हिरण्येश भितरल्यान दार धाडायत मम्माक उलो मारता तें मम्माच्या कानार पडले. मम्मा त्या बायलांक धुकलून भितर धांवली. सगळ्या दारांक भायल्यान खिळी घाल्ली. आनी तसल्याच बंद बाथरूमांतल्यान हिरण्येशाचो रडपाचो आवाज येता. दाराची खिळी काडटकच भितर रडून रडून ज्यार जाल्ल्या हिरण्येशान मम्माक घट्ट वेंग मारली.

एक दीस बिर्ला मंदीर पळोवपाक गेल्लीं. दनपारचो कड. रखरखीत वत. नूतन मावशेची भयण आनी भावोजी लिफ्टीन गेलीं. तीं जाण्टीं न्हय मम्मान आपल्या मोट्या पोटाचो फायदो मात बरो घेतलो. तिकाय लिफ्ट मेळ्ळी. लिफ्टवालो समजला आसतलो मम्मा गुरवार आसा म्हणून. आमी मात वतान पायऱ्यो चडून वयर गेलीं. मम्मा वयर पावतकच हात दाखयताली. कसली तिडक मारली जाणां. देवळाची सोबितकाय दोळ्यांनीच पळोवपाचीं.

मागीर आमी चारमिनार पळोवपाक गेलीं. थंय चारमिनाराचे पयले

माळयेरबी वचून आयलीं. मम्मा आतां सांगता तेन्ना हांव खूब भियेल्लें म्हणून. आसूं येत. एक मात खरें मायाताई फाटल्यान रावल्यार बेगिबेगीन सगळें पळोवंक मेळटालें. चारमिनारा भायल्या बाजारांत मम्मान हिरण्येशाक एक बॅटरे वयली गाडी घेतली आनी क्रिकेट बॅट-लाकडाचें, सामकें सवाय. म्हाका कितें घेतलें उगडास जायना. पूण सवाय म्हूण सगळ्या पंगडान बरीं बरीं बॅगां मात उखल्लीं. डाळमाचो रोस मात सामको सवाय आनी रूचीक.

म्हाका सगळ्यांत आवडलो तो 'झू' पळोवपाचो दीस. मायाताईन पयलींच सांगलें, 'कोणाक सालारजंग म्युझीयम पळोवपाक जाय तीं नूतनमावशे वांगडा वचात. कोणाक झू पळोवपाक जाय तीं म्हजे वांगडा येयात.'

आमी गेलीं मायाताई वांगडा. थंय पयल्यान पयलीं आमकां दिसलो तो धवो वाग. बरो नेटान भोंवतालो. ताचे कुशीक पांदरो बी कांयच ना. उक्त्या दोळ्यानी पळोवपाचो येदो मोटो. मागीर पळयले शहामृग. जमनीक फोंड कसो खणून तातूंत तांकां दवरल्यात. ते धावतात आपले भीतर. वयल्यान मनीस चलतात तांचे फाटोफांट भितरल्यान ते धांवतात. मातशे मुखार गीद पळयले. आवयस् केदे मोटे. मनशायेदे. व्हडल्या व्हडल्या झाडांचेर बशिल्ले. त्या झाडां वयर जाळीं. मागीर धवे, रंगीत मोर पळयले. तरेतरेचे पोपट पळयले. म्हाका आवडलो तो तांबडोच पोपट जाचो गळो भांगरा कोराचो आसलो. चिमण्यो तरी कितल्यो. एका तळपा कुशीक उदकाचें तळे आनी तळपाचेर वांस्वेलां. वांस्वेलांक पळयत आसतना एका वांस्वेलान उदकांत उडी मारली आनी आमी आसा तेवटेन पेवपाक लागलें. आमी सामकीं भियेलीं. पूण आमी वयर आशिल्लीं. थंय तीं कशीं पावपाचीं. पूण आमकां पिशांक तेन्ना कळ्ळेंच ना. कळ्ळें तेन्ना हांसलीं.

खरी मजा आयली ती तांचे खाशेले जाळयेचे गाडयें बसून जनावरां

पळोवंक गेल्लीं तेन्ना. तिकेटी घेवन आमी सगळीं गाडयेंत बसलीं. गाडी एका व्हडल्या लोखंडाच्या दाराकडेन पावली आनी सॅक्युरिटीन दार उक्तें केलें. गाडी भितर सरतकच रोखडेंच दार बंद केलें. आनी कितें पळयतलीं. बाबा रे बाबा! वागूच वाग. येदे येदे मोटे. आमची भियेवन गुळी. तांच्या मुखारसावन आमची गाडी गेली. मम्मा मदींच बंगळूरच्या उक्ते गाडयैंतल्यान वाग पळोवपाक गेल्ले एके फामिलेंतल्या एका भुरग्याक वागान ओडून काडून व्हेलो ती गजाल सांगता आमी आनीक भियेलीं. मागीर दुसरें लोखंडाचें दार. तें उक्तें केलें. आनी कितें सांगूं. सगळीं वास्वेलां आमचे गाडयेचे आशिकुशीक. एक वांस्वेल तर सामकें आमचे गाडयेकडेन आयलें. आमी सगळीं भियेलीं. मोहिताच्यो तर रडून किंळच्यो. हांव भियेल्लें. पूण तशें दाखोवंक ना. वांस्वेल जाळयेक आपल्या नाखटाच्या पायांनी घट्ट धरून भितर आमकां पळोवंक लागलें. तेन्ना तर सामकीच भियेलीं. पूण किरण मावशी मात त्या वास्वेलाक हात लावंक सोदताली.

मागीर आमी पळयले रातचे रानांत भोंवपी प्राणी. थंय मात म्हाका सामको भंय दिसलो. एके काळखे घोलींत आमकां व्हेल्लें. व्हडल्या उजवाडाची बॅटरी मारून आमकां जनावरां दाखयलीं. एकेकडेन सगळे घुगूमच. ल्हान-मोटे, तरेतरेच्या रंगाचे, तांबड्याच दोळ्यांचे. पळोवपाक लेगीत भिरांकूळ दिसताले. लागींच एक राममाजर आसलें. सारकें घरांतल्या माजरावरी दिसतालें. पूण रागान हेवटेन तेवटेन पासयो मारतालें. मदींच रागारागान आमकां पळयतालें. फुडें तरेतरेचे विखयाळे सोरोप. म्हाका तांकां पळोवन वीट दिसली. थंयच्यान मुखार एक मुंगुसा भशेन दिसपी प्राणी. ताचें नांव याद ना. तो मडीं उस्तून खाता अशें थंयच्या गायडान सांगलें. हांव केन्नाच विसरचेंना त्या वनमाणसाक. धाकटुलोच, टिंगू कसो तो झाडांच्या पानांनी लिपिल्लो. ताचेर बॅटरेचो उजवाड पडटकच बाबडो जावन पळोवपाक लागलो. ताच्या मोटया मोटया

दोळ्यांनी. दिसतालें आतां रडटलो काय, मम्मा म्हणून. ते घोलींत पयलीं काळोख आनी भितर ही भिरांकूळ कशी जनावरां. तीं पळोवन मोहित आनी निलामावशेचो चलो सामकोच भियेल्लो. म्हणून आमी थंय सावन बेगिबेगीन भायर सरलीं.

आमकां थंयसल्लें मत्स्यालय पळोवपाक जाय आसलें. पूण अनिल मावसो कसोच रावपाक तयार ना. आनी निलामावशेचो चलोय वचुया म्हूण सांगूक लागलो. मागीर आनी कितें गेलीं परत. मत्स्यालय पळयनासतना.

त्या दिसा आमीं सांजेचीं एमटीआर गार्डन्स पळोवंक गेल्लीं. बरें व्हडलें गार्डन. तें आख्खे गार्डन भोवून पळोवपाक जाय जाल्यार धाकटुले ट्रेनींत बसचें पडटा. मागीर आमी थंय अजाप पळयलें. एक म्हारूख. व्हडलो. लायटी बी घालून चकचकीत केल्लो. खूब जाण त्या रूखाक आशिल्ल्या सोंपणां वयल्यान वयर चडटाले. थंय धाकटुल्यो बोटी दवरिल्ल्यो. तातूंत बशिल्ले लोक झाडाचे एके खांदयेंतल्यान भितर सरताले. बोटी पोंदा घसघश्यांनी उदक व्हांवतालें. भितर सरिल्ले लोक व्हडल्या व्हडल्यान किंळच्यो मारताले. झाडाच्या मुळाकडेन त्यो बोटी भायर येताल्यो. मागीर आमीय तातूंतय बसलीं. योगीनीदिदी आनी मोहित एके बोटींत आनी हांव आनी हिरण्येश एके बोटींत. हांव बोटींत फुडेंच बशिल्लें आनी हिरण्येश फाटीं. आमची बोट घोलींत भितर सरली आनी घे आमच्यो किंळच्यो सुरू. ते घोलींतल्यान उदकांतल्यान घुंवत घुंवत आमची बोट मुळाकडेन वताली. हांव फुडें बशिल्लें म्हणून म्हाका भंय आशिल्लो. हांव पडलें जाल्यार, आडखळून उरलें जाल्यार, बोट उमथी जावन बुडलें जाल्यार. प्रस्नूच प्रस्न. सुटले आपशींच सकयल पावतकच. आमकां कांयच जायनासतना, सामकी मजा करीत आमी मुळाकडेन पावलीं. मागीर तें झाड सारकें पळोवया म्हूण आमी त्या झाडाक भोंवताडो घालो. आवयस्, केदें व्हडलें झाड तें. त्या झाडाकडेन

खूब मजा आयली.

मागीर थंय जमनी सकयल (अंडरग्रांवड) वचपाक सोंपणां आसलीं. तीं देंवून गेलीं. थंय सामकी मज्जाच मज्जा. कितल्योश्योच गेम्स. स्कुटरीर बसून स्कुटर चलयिल्ल्या भशेन करप. फुडें स्क्रिनीचेर धांवतो रस्तो, विमानांत बसपाची गेम, आयसलँड. पूण तांच्यो तिकेटी खूब आनी आमी पडलीं ल्हान भुरगीं म्हूण घडये आमकां थंय कित्याचेरूच बसपाक दिलें ना. थंय मजा आयलीना. मागीर हॉटेलांत वचपाची गडबड.

एक दीस मात खास फिल्म सिटींत वचपा खातीरूच दवरिल्लो. रामाराव फिल्म सिटी. आमी एका हॉटेलांतले खास बशींतल्यान थंय गेलीं. खूब व्हडली सिटी. एक गांव कसो. थंय पावतकच तांचे बशींत बसून आमकां फिल्म सिटीचे भोंवडेर व्हेलें. तो गायड जो आशिल्लो तो मजाच करतालो. गोविंदा आनी रवीना टंडनाच्या सिनेमांतलें तें पद, 'अखियोंसे गोली मारे' थंयच्या पुतळ्यांकडेन ताचें शुटिंग केल्लें तें ताणें दाखयलें. एकाच घराच्या चार वाटांनी चार तरा. म्हणचे एके वटेन हिरोचें घर, दुसरे वटेन हिरोईनीचें घर जाल्यार तिसरेवटेन विमानतळ आनी चवथे वटेन रेल्वे स्टेशन. रेल्वे थंय उब्यो आशिल्ल्यो. पूण कॉमिक. तांकां सकयल बशीचे टायर. त्या घरांत 'हम दिल दे चुके सनम' सिनेमाचें शुटींग जाल्लें म्हूण ताणें सांगलें. मागीर ताणें एका दोंगरार एक देवूळ दाखयलें. दर एका सिनेमा फाटल्यान ह्या देवळांतलो देव बदलता अशें ताणें सांगलें. जंतर मंतर गार्डन मात ताणें आमकां भायल्यानूच दाखयलें. त्या गार्डनांत खंय एकदां भितर सरलो काय भायर येवपाक कठीण. मागीर ताणें आमकां दोन महाल दाखयले. थंय 'ढोल बाजे' ह्या पदाचें शुटिंग जाल्लें अशें ताणें सांगलें. मागीर बस परतली.

मागीर आमीच भोंवून पळोवपाचें. थंय पयलींच भितर सरतना पोरणे तरेचीं घरां बी दाखयल्यांत. मागीर आमी मीना बाजार म्हणून पळयलो. थंयच तरेतरेचीं कांकणा आसलीं. थंय एक हॉटेल आशिल्लें

थंय कितें खावन आमी परत मुखार भोंवपाक लागलीं. थंयच आमी पयले फावट स्पॉंजाचे व्हडले बावले पळयले. आमी भुरग्यांनी ताचेर खूब उडयो मारल्यो. एक स्पाँजाचीच लांबचे लांब ट्रेन कशी. एके वटेन भितर सरपाचें. भितर सामकें थंड-थंड. आमी सगळीं आपशींच मुखार धुकलत रावतालीं. एका कंपार्टमेंटांतल्यान दुसऱ्या कंपार्टमेंटांत. आमी थंय किंळच्यो मारून खूब मजा केली. निमाण्या कंपार्टमेंटांत धुकलत येवन दुसरे वटेंतल्यान भायर येतालीं. दोन दोन फावट गेलीं आमी भितर. मायाताई आनी मम्मा आपल्याक भितर वचूंक मेळना म्हूण चुटपुट्टालीं. थंय निळ्याच रंगाचें एका बावल्याचें उक्तें तोंड आसलें. तोंडांतल्यान लांबचे लांब तांबडीच जीब भायर सरिल्ली. ते जिबेचेर उबे रावन नूतनमावशेन आमचे फोटो काडले. मागीर भितर वतकच एकेकडेन एक माची कशी आशिल्ली. ताचेर वचून उडयो मारपाच्यो. वयर वयर वचून सकयल डब्ब करून पडप. दोन झाडांक दोरी बांदून एका पोंता वयल्यान दुसऱ्या पोताचेर दोरयेक आशिल्ल्या चक्राक धरून वचपाचें. हिरण्येश गेलो पूण अर्द्यार पावूनच सकयल मातयेंत पडलो. मागीर पळयलें स्टंट सीन. थंय स्टंट सीन कशे करतात ते दाखयताले. वयल्यान उडी मारप, पिस्तुलांतल्यान गुळी मारप, ठो ठो ठो. तांचे मदीं एकटो कॉमेडियन आसलो तो म्हाका आवडलो. पूण पिस्तुलांचो आवाज बी म्हाका आवडूंक ना. थंयच्यान आनीक एका हॉलांत डॉनाल्ड डकाचे बी कपडे घालूच व्हडले बावले नाचताले. तांणी म्हाकाय नाचपाक ओडून व्हेलें. हांव मातशें भियेल्लें तांच्या वांगडा नाचतना. पूण मजा आयली.

मागीर दुसरेकडेन गेलीं. थंय एक झाड आशिल्लें. आनी झाडाक बरे बुराक. तातूंतल्यान भितर पळोवपाचें. मम्मान सांगलें ताका बाईस्कोप म्हणटात म्हणून. तीं भुरगेपणांत पळयतालीं खंय. भितर तरेतरेचीं चित्रां. आनीक कांय ना. म्हाका मजा आयली मम्मा, बी पयलींच्यो यादी काडून किटकिट्टालीं. दुसरेकडेन एक बांय आशिल्ली. ते बांयंतल्यान भुरग्याचो

बचाव बचाव आवाज येतालो. पळयल्यार एक बावलो, बुडटा बुडटा वयर येता आनी आड्डुता. थंयच्यान मुखार गेलीं थंय एक घर आशिल्लें. आमी घरांत भितर सरलीं. बरें थंड. कसलोच आवाज ना. थंय एक सोफा आशिल्लो. ताचेर आमकां बस म्हणून सांगलें. आमी बसलीं मात. भुंयकांप कसो जाल्ल्या भशेन आवाज. आमी भियेवन भायर आयलीं. दुसऱ्या घरांत मात आमी भियेत भियेत भितर सरलीं. थंय एक बायल उदक शिंपताली. केदोवेळ कांयच ना. अकस्मात ती बायल घुंवली आनी आमचेर उदक शिंवरलें. आमी धांवत भायर. मज्जा आयली.

खरी मजा आयली ती जंतरमंतर घरांत भितर सरतकच. तिकेट घेवन भितर सरलीं. भितर सरतनाच एक भयानक वातावरण तयार जाल्लें. मुखार सरता तशी एक बायल दिश्टी पडली. तो बायलेचो पुतळो. तिच्या फुड्यांत पावता म्हणल्यार अकस्मात ती भूत कशी दिसपाक लागली. मागीर मंद लायटींत आमी फुडें सरपाक लागलीं. आवयस् कॉमिक. फुडलो मनीस आमकां भूत कसो दिसपाक लागलो. दर एकाक आपले फुडलो मनीस भूत कसो दिसता. घे, लागलीं सगळीं किंळच्यो मारूंक. मागीर लागली एक कूड. थंय पांय दवरताच च्युंय करून वयर उडटा. म्हज्या मम्मान तर थंय उडयो मारून खूब एन्जॉय केलें. मुखार सरतकच एक पूल मेळ्ळो. पुला पोंदच्यान उजो कसो पेट्टालो आनी एके वटेंतल्यान धबधबो व्हांवतालो. त्या पुला वयल्यान आमकां दुसरेवटेन वचपाचें आसलें. सगळीं भियेत भियेत तेवटेन वचपाक लागलीं. आनी... आनी आवय गे म्हजे, केदो व्हडलो सोरोप. फुड्यांत होंऽ करून आयलो. परत्यो किंळच्यो. थंयच्यान मुखार सरतकच एका बुराकांतल्यान भायर सरप. म्हाका, मोहिताक आनी हिरण्येशाक हांगा खूब मजा आयली. थंयच्यान भायर सरून आमी भायर आयलीं. थंय मोहित आनी हिरण्येश धाकटुले गाडयेंत बसपाक धांवले. ल्हान ल्हान गाडयो. तातूंत बसून आमीच त्यो चलोवपाच्यो. गाडयो एकामेकाक आपट्टटात. हांव मात

गाडयेंत बसतना भियेंलें. म्हणून मागीर तांचो एक मनीस म्हजे गाडयेंत बसून ताणें गाडी चलयली. हांव थंयच्यान रोखडेंच भायर आयलें. पूण हिरण्येश आनी मोहित थंयच्यान हालपाक तयारूच नात्त. निमाणें आमचो परतो वचपाचो वेळ जालो. पर्थून एकदां फिल्म सिटींत येवपाकूच जाय, डाडाक बी घेवन अशें तेन्ना हांवें मनांत म्हणलें.

हैदराबादांत आमी खूब भोंवलीं. सगळीं मेळून वतना रिक्षा करतालीं. तेन्ना मम्मा म्हाका दुसऱ्यांचे रिक्षेंत धाडटाली. केन्ना मायाताई वांगडा, केन्ना नूतन मावशेवांगडा आनी हिरण्येशाक आपल्या वांगडा व्हरताली. हांव मागीर चडफडटालें आनी रडटालेंय. मम्मा वांगडाच वतां म्हणून घट्ट धरतालें. मम्मा हिरण्येशाकच बरें करता अशें म्हाका दिसतालें. हांव मम्माक नाका दिसता अशें म्हाका दिसतालें. आतां कळटा, हिरण्येश लांब आनी व्हडलो आसलो. दुसऱ्यांचे मांडयेर बसयल्यार तांकां त्रास जावं येता हें चिंतून घडये म्हाका तांच्या वांगडा धाडटाली दिसता.

कवी संमेलनाचो निमाणो दीस जालो. तें सोंपलें तशें हॉटेलूय ना. आमकां दुसरें हॉटेल करचें पडपाचें. तेन्ना गोंयचे एक भाव नगर्सेकार हांणी आमकां हॉटेलांत एक रूम दिलो आनी बरो घसघशीत ब्रेकफास्ट. इडल्यो म्हूण नाका, शिरो म्हणू नाका, फोव म्हणू नाका. कितें खावं आनी कितें नाका. मागीर योगिनीताईची एक सोयरी आयली आनी तिणें आमकां मोतयांच्या बाजारांत व्हेलें. मोतयांचे ते तोडे, हार, कानांतलीं पळोवन नूतन मावशी, मायाताई सयत सगळो बायलां पंगड इतलो भुल्लो की एका दुकानांतल्यान भायर सरपाक एक एक वर काडपाक लागलीं. मागीर एका हॉटेलांत आमी जेवण घेतलें. थंय खाल्ल्या मटका आयस्क्रिमाची रूच अजून याद आसा. बॅस्ट.

मागीर गोंयांत येवपाक भायर सरलीं. गाडयेंत आमी तिगांय मोहित, हिरण्येश आनी हांव बोगदे येतकच भुतांचें आवाज काडून किंळच्यो मारतालीं.

गाडयेंत सगळीं जाणां गजाली करतालीं. कोण न्हिदून, कोण बसून. तेन्ना हांव वयर बसून आशिल्लें. मम्माच्या पोटात पळोवन तेन्ना म्हाका एक कविता सुचली. हांवें ती बरोवन काडली आनी सकयल येवन सगळ्यांक दाखयली. पूण मम्माच्या इश्टिणींक घडये म्हजे कवितेचेर दुबाव आसलो. हांगाच बरयल्या, काय घरा बरोवन हाडल्या अशें विचारपाक लागल्यो. मम्माचेर बरयल्या तशें डाडाचेर बरोवन दाखय अशें म्हणूंक लागल्यो. म्हाका खरें म्हणल्यार वायट दिसलें. म्हणून नेटान हांवें डाडाचेरूय कविता बरोवन दाखयली. एकदांची पावलीं बाये घरा. घरा पावलें ताच्या दुसऱ्या दिसा हांव शाळेंत गेलें. म्हाका केन्ना एकदां गॅदरिंगाच्यो गजाली आयकन जाल्ल्यो. पूण कॉमिक म्हणल्यार म्हज्या इश्टिणींक हैदराबादाच्यो गजाली आयकुपाच्यो आसल्यो. हांवेंय तांकां त्यो बऱ्यो आंबट-तिखट लोणच्या भशेन रुचीन सांगल्यो.

3. नाशिकाची भोंवडी

मे आनी जून म्हयन्यांत हांव क्रॅश कोर्साच्या निमतान नाशिक सायन्स अॅकेडॅमींत आशिल्लें. आमचे क्रॅश कोर्स सोंपपाच्या वेळार आमकां नाशिक भोंवडावपाची कार्यावळ आसा म्हूण सांगलें मात आमी सगळीं व्हडल्यान आड्डलीं 'हुर्रे हुर्रे'

मागीर घे, गर्ल्स हॉस्टेलांत आमचो बोवाळ सुरू. 'अग युगा, तुझ्या कडच्या सगळ्या बिस्कीट्स घे हं', 'अग, तू हे घे, तू ते घे' तांच्या बोवाळांत हांवूय आशिल्लें.

केन्ना एकदां पिकनिकेचो दीस उदेता अशें जाल्लें. जालो, आयलो एकदांचो पिकनिकेची दीस. आमकां ब्रेकफास्टाक आपयलें, तशीं आमी खालीं-पिलीं आनी बशीची वाट पळयत रावलीं. घे तीन बशी आयल्यो. एक लेडीज कंडक्टर लेगीत आशिल्ली. आमकां दिसलें आमची बस आयली म्हणून. आमी पिशीं कशीं जनेलां धरूंक धांवली. पळयल्यार कितें चल्यांची बस. आमच्या पिसायपणा खातीर मागीर आमी हांस-हांसली. मागीर बाये आमकां कळ्ळें निमाणी बस आमची. आमी बशींत बसलीं. हांवें जनेल धरलें. इतल्यांत एक कॅमरामॅन आयलो आनी शुटिंग काडूंक लागलो. ताका पळोवन आमीय मातसो नेट मारलो. पदां शीं म्हणूंक लागलीं, ॲक्टिंग करपाक लागलीं. मागीर बस सुरू जाली तशीं आमी व्हडल्या व्हडल्यान पदां म्हणपाक सुरवात केली.

आमकां सगळ्यांत पयलीं ‘मुक्तीधामा’क व्हेलें. हांगा भगवान विष्णूचे सगळे अवतार मुर्तीरुपांत दवरिल्ले आसात. म्हाका ‘वराह रुपां’तलो विष्णूचो अवतार पळोवन म्हजे आजयेची (माई) याद जाली. ती खूब फावट आमकां विष्णू पुराणांतल्यो काणयो सांगताली. तेन्ना माईन सांगिल्ली वराह अवताराची काणी हांवें मागीर म्हज्या इश्टिणींक म्हजे मराठींत सांगली.

मागीर आमकां ‘पांडव लेणी’ दाखयलीं. दोंगर कापून केल्या खंय हीं लेणीं. हीं लेणीं बरीं सजयल्या. एक इतिहासीक दायज अशें आमकां सरान सांगलें. हांगा वारें मात बरें मारतां. मागीर गेलीं कालिका मंदीर पळोवंक. तें एक ल्हानशें देवूळ. आनी आशिकुशीक व्हडलें कांय ना. हांवें थंय फकत पांच रुपयाचे तिळगूळ घेतले आनी एकट्यानूच बसून खाले पंचवटीचीं देवळां मात बरीं. काळारामाचें, गोरारामाचें आनी आनीक तीन देवळां आसात. तीं पांच वडांच्या झाडा कडेनूच बांदल्यांत. ताचे फाटल्यान इतिहास आसा तो आमकां थंयच्या गायडान सांगलो.

‘मनी म्युझियमांत’ तुमकां पळोवंक मेळटात पोरण्या पयशांचीं नाणीं. भारतांत जितले राजा आयले तांणी आपल्या नांवान जीं नाणी काडिल्लीं तीं तुमकां पळोवपाक मेळटात. आनी चित्रकारांनी काडिल्लीं बरीं सुंदर चित्रां पळोवपाक मेळटात.

मागीरचो ‘सायन्स म्युजियम’ सामको पळोवपा सारकोच. थंय तांणी एक घर कशें बांदलां. भुंयकांप जातकच कशें दिसता तें थंय अणभवपाक मेळटा. कांय ना, म्हाका जाल्यार ट्रेनींत एक रात काडली कशें दिसलें. थंय आनीक एक गजाल आसा. जेन्ना उदक काबार जातलें तेन्ना पृथ्वी कशी दिसतली ताचो मॉडेल दाखयला.

आतां ‘पेटपुजा’ हॉस्टेलांतलें सदचें जेवण खावन वाज आयिल्लो. हांगा मात मस्त जेवण. फ्रायड रायस, लोणचें, गोडशें, पुरी, भाजी आनी म्हजे आवडीचे म्हातारेचे केंस (बुढ्ढी का बाल)

जेवन पोटोबा फुल्ल जालो आनी मागीर गेलीं तपोवन पळोवपाक. गोदावरी न्हंयेचे देगेर आशिल्ल्या ह्या तपोवनांत लक्ष्मणान शुर्पणखाचें नाक कापिल्लें खंय. तिची नाक कापिल्ली मूर्त थंय दवरल्या. तेन्नाय म्हाका परत माईची (आजी) याद जाली. तिणें आमकां शुर्पणखेचीय काणी सांगिल्ली.

सोमेश्वर पावतकच आमी सगळीं देवळां पळयलीं आनी मस्तपैकी बोटिंग केलें. बोटिंग करतना कांय पिक्चरांच्यो यादीय काडल्यो.

त्र्यंबकेश्वराक देवळांत वचपाक लोखणान बांदून काडिल्ले दांडे कशे लावन वाट केल्या. त्या दांड्या भितर लायनींत रावपाक जाय. पूण त्या दांड्याक हात लावपाक वीट येता कारण ते कळमेल्यात. कांय जाण लायन सोडून ह्या दांड्या वयल्यान उडक्यो मारीत मारीत मदींच देवळांत घुसताले. पूण आमी बाबा खरीं देवभक्त. आमकां आनी कोणें कितें म्हणपाक नाका आशिल्लें. आमी लायनींत रावन देवाची भेट घेतली. देवूळ सामकें पोरणें. पूण ताचेर बरे डिजायन आशिल्ले. इतलो वेळ लायनींत रावून पांय सामके दुखिल्ले आनी पोटाक लागिल्ली भूक. मागीर भायर येतकच आमी रावतात. पाणीपुरी खावंक धांव मारली.

आतां निमाणें देवूळ. नांव विसरलें देवाचें. पूण बरें उंच देवूळ. सुंदर तरेन सजयलां. वा! फूल मार्क ताकाच. धा पैकी धा.

4. म्हजें हिमालयन ट्रॅकिंग

आमची आठवेची परिक्षा सोंपली. सुटी पडली. एक दीस आमगेर अनिल सर आयलो आनी म्हणूंक लागलो, 'आमच्या गोवा हायकिंग असोसिएशनाचो हिमालयन ट्रॅक आसा. तुमी युगाक धाडल्यार ताच्या तिगांय भावांक व्हरतां. (म्हजो भाव हिरण्येश, चुलत भाव विश्वेश आनी मावस भाव आकाश) सरान अशें म्हणिना फुडें डाडा सामको भुल्लो. ताणें म्हाका विचारलें. हांव कितें म्हणटलें. हांवें मम्माक फोन मारलो. तिणें म्हणलें डाडाक विचार. डाडान हय म्हणलां, हांवें सांगलें. डाडान सांगलां म्हणटकच मागीर आनी आवाज आसा मम्माचो. तिणेंय हय म्हणलें ट्रॅकिंगेक.

ट्रेकिंगेक वचपाक थोडेच दीस उरिल्ले. एक दीस विश्वेश आमगेर आयलो आनी सगळें ए टू झेड विचारूंक लागलो. हिरण्येश पयलीं ट्रेकिंगेक गेल्लो. ताणें आपल्याक खबर आशिल्लें तितलेंय सांगलें. आनी आमी शॉपिंग करपाक गेलीं. सामान बी जाय कसलें हें कळचें म्हूण हिरू आनी विशू अनिल सरागेर गेले आनी तांकां कितें कळ्ळें जाणा? विशूची आनी अकूची (आकाश) तिकेटूच कन्फर्म ना.घे आमचो मूड ऑफ. म्हजी मम्मा एक्स्पर्ट असल्या कामाक. तिणें आमकांय सांगून दवरलें. एकट्याक लेगीत ना म्हणलें कोणेंच वचपाचें ना. मागीर हांव पळयतां.



मम्मा उलयली तसो आमचो मूड जाग्यार आयलो. आनी खरेंच मम्मान धांवपळ करून आमची सगळ्यांची तिकेट कनफर्म करूंक लायली. खरें सांगूं आमी मम्माक मनांतल्यान सामकीं पांयां पडलीं. वयल्यान मात थँक यू मम्मा इतलेंच म्हणलें. वचपाच्या आदल्या दिसा मिटिंग आशिल्ली. पयलीं म्हाका हांव एकटेंच पडटलें अशें दिशिल्लें. पूण ना, म्हाका कांय नव्यो इश्टिणी आनी म्हज्यो पयलींच्यो इश्टिणींय थंय मेळ्ळ्यो. मिटिंगेक आमकां भरपूर लॅक्चरां आयकूंक मेळ्ळी. पासियेंस काडून आयकलीं हांवें. आतां फकत वचपाची तयारी. फाल्यां 11 वरांचेर मडगांवां ट्रेनीर चडप. अकू-विशू बी आयजूच आमगेर आयिल्ले. सगळीं जाणां आपापल्या सपनांत गुल्ल जाल्लीं.

वचपाचो दीस उदेलो. सगळीं जाणां वेळार पणजेच्या बसस्टॅण्डार पावलीं. थंय म्हज्यो इश्टिणी पयलींच हाजीर आशिल्ल्यो. आमचे खातीर एक अखखी कदंबा शटल बस घेतिल्ली. सोमतीं बस स्टॅण्डा वयल्यान

मडगांव रेल्वे स्टेशनार. थंय अनिल सर आनी बाकीचे सरूय (आमच्या इश्कॉलांतले आनीक दोग जाण आनी ट्रॅकिंगेचे हेर सर उबे आशिल्ले. एकदांची ट्रेन आयली आनी आमी सगळीं ट्रेनींत चडलीं. मम्मान सगळें जाग्यार घाल्लें पूण तरीय सीट कनफर्म जाला काय ना म्हणून ओगीच भंय दिसलो. पूण सगळें खरेंच जाग्यार पडिल्लें. म्हज्यो इश्टिणीय म्हज्या डब्यांत बसल्यो. मागीर घे आमच्यो गजाली सुरू. हांवें म्हज्यो ट्रेनींतल्यो कांय पयलींच्यो यादी तांकां सांगल्यो. आमच्या डब्यांत एक दादलो बशिल्लो. पिसांट सो आमकां चलयांकच पळयतालो. आमी थारायलें. ताकाच पिश्यांत काडया. आमी मागीर स्टायल मारपाक लागलीं. आमी काळे गॉगल्स काडून घाले. त्या दादल्यान तें पळयलें आनी आपलेंय गॉगल ताणें काडून दोळ्यांक लायलें. आमी मोबायल काडून ओगीच कानाक लायलो. तो पिसोय आपलो मोबायल काडून स्टायल मारपाक लागलो. तशीं आमी हांसलीं आनी बाबड्याक कळ्ळें आमी ताचीं फकांडां मारतात म्हणून. तो मागीर ओग्गी पडलो. मागीर आमी ट्रेनींत गावपाक सुरवात केली. आनी गायतां गायतां ह्या डब्यांतल्यान त्या डब्यांत माकोड नाचता तशीं नाचपाक लागलीं. एक दीस असोच सोंपलो. दुसऱ्या दिसा आमी दिल्ली पावलीं. दिल्ली सावन आमकां डायरेक्ट कसोल व्हरतलें म्हणून सांगलें. आतां आनी कांयच खावप ना बद्द वाटेर एका धाब्यार जेवण मेळटलें. आमी वाटेर पिवपा खातीर उदकाच्यो खूब बाटल्यो घेतिल्यो. आमकां न्हिदूंक सांगलें. जें भुरगें सदांच बारा मेरेन न्हिदता तें आयज आठाकच न्हिदपाक लागलें. तें भुरगें म्हणल्यार हांव. रातची बस बद्द 9.30 वरांचेर एका धाब्यार थांबली आमकां जेवण दिलें. तें जेवण मात म्हाका पचूंक ना. रातभर बशींत घुंवता. सकाळीं मातसो दोळो लागता म्हणल्यार जागें जालें. पूण जागें

जालें तशी घुंवळ येवपाक लागली. वारें ना बशीचीं सगळीं जनेलां बंद. घुस्मटून मागीर कुशीत दवरिल्ले प्लास्टिकाचे पोतयेंत चार-पांच आमलेटी काडल्यो. बऱ्यावेळा उपरांत ब्रेकफास्टा खातीर आमकां एका हॉटेलांत व्हेलें. आनी थंय कितें काय म्हणल्यार फकत स्लायस ब्रेड आनी जॅम. हरशीं हांव असलें चडूच खातां. पूण हांगा झक मारीत खावचें पडलें. सांज जायसर आमी कसोलाक पावलीं.

कासोलांतलो एक दीस

आमी सगळीं खूब थकिल्लीं. मातशी रॅस्ट घेवन शॉपिंगाक गेलीं. शॉपिंगेक वतना हांवें बॅगातले दोनशे रुपया काडले. पूण तेन्ना कांय पयशे सकयल पडले तें म्हज्या लक्षांतच आयलें ना. जेन्ना कळ्ळें तेन्ना दिसलें आतां खंय म्हूण सोदूं? हांव सामकें रडपाक पावलें. आतां आनी कांयच उपेग ना. शेणले ते शेणले. जापसालदारी आमी घेवप. म्हजें तोंड रडकुरें जालें. त्या दिसा तशेंच न्हिदलें.

दुसऱ्या दिसा आमकां कसोल जॉगिंगेक व्हेलें. परत येतकच ब्रेकफास्ट आसलो. मागीर आमकां ट्रॅकिंगेक आनी रिवर क्रॉसिंगेक व्हेलें. जेवण आनी रॉक क्लायंबिंग आनी डावन रॅपलिंग आसलें. हांवें रॉक क्लायबिंग केल्लें. पूण हांगा मातशें वेगळें आसतलें अशें दिसलें. पळयल्यार सामकेंच वेगळें. आमकां हातांनी धरून दोंगुल्ली चडची पडली. बोटां मात सामकींच चुरचुरलीं. म्हाका फिल्मांतल्या हिरोची याद जाली. म्हणजे हिरो कसो दोंगरावयल्यान सकयल पडल्यार ल्हवूच हात लावन वयर येता आनी फाटल्यान वळून पळयल्यार मरतलो कसो दिसता. तशेंच आमकां जालें. वयर चडलीं आतां देंवपाचें. डावन रॅपलिंग. हांव सॅकंड लास्ट आशिल्लें आनी एक भुरगो निमाणो आशिल्लो. आमी

दोगांयनी वांगडाच देंवपाचें थारायलें. देंवपाक सामको भंय दिसतालो. मातशें निसरल्यार न्हंयेंत पडटलें म्हणून आमी दोगांयनी बसून वचपाचें थारायलें. म्हणजे तण कशें आसा थंय बसून वचप आनी फातर आसा थंय उठून फातरांक धरून देंवप. अशें करत करत सकयल गेलीं. सामकी दशा जाल्ली. सकयल पावतकच कळ्ळें. आमच्या पॅन्टींक कांटे तोपल्यात. ते आमकां कूच कूच करून तोंपूंक लागले. आमी सोमती न्हंयचेर धांव मारली. पॅन्टीक उदक लावन कांटे काडले. म्हणजे कुसां कशीं लागिल्लीं तीं काडलीं. निमाणें बेस कॅम्पार वचपाचो वेळ आयलो. रातीं न्हिदतना परत शेणिल्ल्या पयशांची याद आयली. पूण हांवें कशें बशें म्हाकाच समजायलें.

रासोलाक वचपाचो दीस (2690 मिटर)

हांव उदास कशें आसलें. पूण एके वटेन खूशय आसलें. आमी चलूंक सुरवात केली. पयल्या दिसा सगळीं बरीं चल्लीं. निमाणें पावतां पावतां हांव मातशें मातशें थकूंक लागले. आमी आतां रासोल गांवांत पावलीं. थंयच्या लोकांक पळोवन म्हाका काकुळट दिसली. भुरग्यांक पळोवन चड. येदीशीं भुरगीं. गुडीगुडी... कितें करूं तांकां कांयच कळना जालें. चॉकलेट-बिस्कूट म्हणपाक कोणें शिकयलें कोण जाणा. पूण फाट सोडिनासलीं. एकदांची रासोलाच्या बेस कँपार पावलीं. सदचेवरी आमी थंय मजा मारली.

रिनगन थॅच वचपाचो दीस (3050 मिटर)

ह्या दिसा सामकी वेगळीच मजा. सकाळीं उठून आमी रिनगनाक

वचपाक भायर सरलीं. सदचे भशेन हांव थकिल्लें. आयज म्हज्यान वयर चडपाक सामकेंच जायना जालें. तरी पूण हांवें मनांत म्हणलें, 'हांव चडटलें'. अर्द्यार चडलें. पुरो जालें. म्हजे पांयच वयर सरना जाले. निमाणें निमाणें तर सामकेंच पडूंक जावपाक लागलें. त्याच वेळार देव

कसो चंद्रेश सर म्हाका पावलो. ताणें म्हाका ल्हवू-ल्हवू वयर चडयलें. आमकां मदीं घसघसो मेळ्ळो. थंय तर कांयच दिसना जालें. मुखारूय कांयच दिसना जालें. आनी फाटींय. सराच्या आदारान हांव कशें तरी मुखार पावलें. आतां आमी दोंगराच्या पोंतार म्हणल्यार अर्द वाटेर पाविल्लीं. हे वटेंतल्यान पळयल्यार देंवती. ते वटेंतल्यान पळयल्यार देंवती. खंयच चडटी दिसनाशिल्ली. मागीर देंवती खरी पूण सामकी रिस्की. मदीं मदीं आमकां गाऱ्याचो पावसूय मेळटालो. ही देंवती खूब निसरपाची आशिल्ली. देंवतां-देवतां हांव मदींच पडलें. आख्खो रेबो म्हजे पॅन्टीक लागलो. पूण म्हाका कशेंच उठपाक जायना जालें. हांवें म्हजे भशेन यत्न केल्यार पडटलें कशें दिसपाक लागलें. कारण सकयल पळयल्यार देंवती आनी वयर थंयचे कावळे काव काव करताले. इतल्यांत गरूडाचो भाव कसो म्हाका सर पावलो. जसो सकयल पडिल्ल्या पिलाक बी गरूड उबारून व्हरता तशें सरान म्हाका उठयलें आनी हाताक धरून बरे वाटेन व्हरपाक लागलो. म्हाका केन्ना चडटेर भंय दिसना. दिसता तो देंवतेर. मागीर मागीर आमची स्पीड स्लो जावपाक लागली. तेन्ना सरान म्हाका एक आयडिया दिली. बेश्टेंच खंयच रावनासतना स्लो स्लो धांवत वच. पडचें ना. मागीर कितें हांव ल्हवू ल्हवूच पूण धांवूंक लागलें. आनी खरेंच वाटेर पडलेंना. पूण दुसरो पंगड राविल्लो थंय पावतकच मात घबांयच घम.

देंवती काबार जाता थंय एक न्हंय मेळ्ळी. ती क्रॉस करतकच मागीर इल्लीशी चडटी मेळ्ळी. हांगा पावसर आमी उदक म्हणटात तें पियेवंक नाशिल्ली. थंय पावतकच पियेलीं. थंय आनीक एक पंगड मेळ्ळो. तांणी सगळ्यांनी जेवण घेतिल्लें. पूण म्हजें जेवण विशूच्या बॅगांत आशिल्लें. आनी विशू दुसऱ्या पंगडांत. त्या दिसा म्हजो उपास. मागीर

सामकी निमाणी देंवती. थंय देंवतां देंवतां आमी अंताक्षरी सुरू केली. देंवतकच आमकां रस्तो मेळ्ळो. शिमिटान सामको भरिल्लो. दिसतालें जशीं आमी शेणान पांय घालून चलतात. बरें चलतकच वाटेर आमकां चायनीज फास्ट फूड सँटर मेळ्ळें. थंय आमी सगळ्यांनी नूडल्स खाले मागीर आमची मजा. आमकां शॉर्ट कट ट्रॅकिंग. कारण आमच्या वांगडा आशिल्ल्या सगळ्या भुरग्यांक एके गाडयेंत बसोवन अर्द वाटेर सोडटाले. ते गाडयेंत आमचो निमाणो बॅच सामको चोमून चोमून म्हणटात तसो भरिल्लो. सामकी खटारा गाडी. घडक घडक करून आमकां एकेकडेन सोडलें. ऑलरेडी 7 वरां जाल्ली आनीक एक ल्हानसो दोंगर चडपाक जाय आशिल्लो. तो चडटा म्हणल्यार आमकां 8-9 वरां जालीं. वाटेर काळोख आशिल्लो. कांयच दिसनाशिल्लें. अभीन आमकां बॅटरेच्या उजवाडांत वाट दाखयत कशेंतरी वयर हाडलें. त्या दिसा सगळीं जाणां पयलीं कॅम्पफायराच्या उज्याकडेन येवन बसलीं आमचे बूट लागींच

आशिल्ल्यान उज्यांत मात्शे लासले. मागीर आमकां कळ्ळें. आमचे पयलीं गेल्लीं ती भुरगीं पळय तांकां आमचे भशेन गाडी मेळ्ळी ना आनी बाबड्यांक डबल चलचें पडलें. मागीर जेवन आमी सगळीं न्हिदपाक गेलीं. ह्या वेळार आमकां सगळ्यांक बॅडशीट बॅग दिल्लें. तें घेवन आमी न्हिदलीं. सकाळीं पळयल्यार कितें म्हजे दोनूय पांय टॅन्टाच्या भायर. एकटें हांगा एकटें थंय लोळून गेल्ली. आमचे दशेक आमी हांस हांस हांसलीं.

बाकोडा थॅच (आल्ट, 12500 फूट)

आयज सामको खोशयेचो दीस आसलो कित्याक तर आयज आमी आयसाचेर वचपाचीं आसलीं. सगळीं जाणां खूब उमेदीन भायर सरलीं. ह्या वेळार विदावट बॅग बिकॉज व्ही हॅव टू कम बॅक ओवर हियर. वाटेर आमकां तरेतरेचीं फुलां पळोवंक मेळ्ळीं आनी ग्लॅसियर्स पळोवंक मेळ्ळे. एकदांचीं पावली. आतां मज्जाच मजा. आमी आयसाचे गुळे करून एकमेकांचेर मारपाक सुरवात केली. थोड्यांनी गुळे ल्हवूच एकमेकांच्या कपड्यां भितर सोडले. आवयऽऽ ई थंड. मागीर आमी स्लायडिंग केलें. कशें जाणा? आमचेकडेन प्लास्टीक कापोत आसली ती आमच्या आयसाचेर दवरली आनी आमी तीग जाणां ताचेर बसलीं. मदल्याक कांयच काम ना. फुडल्यान कापोतीचें फुडलें पोंत धरपाचें आनी फाटल्यान फाटलें पोंत धरपाचें. मागीर सुर्र करून तिगांय सोमती सकयल वचपाक लागलीं. वा! वा! कितें मज्जा. मागीर जाली फोटे काडपाची कार्यावळ. सारकीं तिनाक थंय सावन परतीं वचपाक लागली. त्या वेळार हिरण्येश म्हज्या वांगडा आसलो. तो म्हाका चाळोवंक लागलो आनी हांव नर्वस जालें. आनी न्हंय क्रॉस करतना निसरून उदकांत पडलें. व्हडलें कांय जालें ना. पूण पॅन्ट मात भिजली. ती भिजिल्ली पॅन्ट घेवन

हांव उरिल्ली वाट चल्लें. त्या दिसा बेस कॅम्पार पावले बराबर कपडे चेंज केले आनी गरम गरम बटाट्याची भजीं म्हणल्यार कापां खाली. सोमतेंच वचून जें न्हिदलें तें बद्द आठांक काय साडेआठांक उठलां आसतलें. सर आमकां जेवंक उठोवंक आयलो म्हूण. जेवलें आनी परत न्हिदूंक गेलें. इतल्यात आमच्या वांगडा आशिल्ली ती आण्टी आनी तिचो

धाकलो चलो आमच्च्या टॅन्टांत न्हिंदूंक आयलीं आनी तांणी म्हाका सामकें चिड्डिल्लें.

मागीर कितें? न्हीद आनी पडटा? जागेंच उरलें.

मालाना डोम सायटीर वचपाचो दीस

म्हाका दिसता त्या दिसा बारा काय इकरा तारीख आसूंय जाय कारण आयज सबनील नांवाच्या लिडराचो वाडदीस आसलो.तो आपलो वाडदीस खंय दर वर्सा हिमालयाचेरूच सॅलेब्रेट करता. आयज आमकां शॉर्टकटान व्हेल्लें आसूंक जाय. कारण त्या दिसा आमी भरपूर देंवती काडिल्ली, चडटी न्हय. आयज आमकां गांवांतल्यान व्हेलें. थंय कितें मोडके-तोडके पूल, एक देवूळ पळयलें. त्या गांवांतलीं मनशां मात भकारीं कशीं. बाबड्यांक कांय खावंक मेळना दिसता.

एक गजाल सांगता. हांव एका जाग्यार वचून बसलें. मुखार देवूळ आशिल्लें. फाटल्यान कांय जाण्टे आनी कांय भुरगीं बशिल्लीं. तीं भुरगीं म्हज्या तोंडाक पळोवपाक लागलीं. तेन्ना मुकेश लिडर आनी ताची बायल थंय आयली. तांणी एक चॉकलेट काडून एके चलयेक दिली. ताणें घेतली ना. पूण ताच्या धाकट्या भावान मात ती उडी मारून घेतली. मागीर लिडरान आनीक कांय चॉकलेटी काडून भुरग्यांक वाटल्यो. हांव चलत रावलें. पळयल्यार कितें म्हजे फाटल्यान तीं भुरगीं लागल्यांत. पूण म्हजेकडेन तर कांयच ना. कितें करतलें. हांवें तांकां बाबा-पुता करून समजायलें आनी सांगलें दुसरे फावट येतलें तेन्ना कितें ना कितें तरी हाडटलेंच म्हूण.

मातशें चल्ले उपरांत आमचो टॅन्ट दिसपाक लागलो. पूण थंय पावपा

खातीर एक देंवती देंवची पडटाली. ते देंवतेर मात म्हाका नाका जालें. कारण थंय त्या गांवच्च्यो बोकड्यो बेंऽऽ करीत हांगा थंय धांवताल्यो. तांका तरेतरेचे आवाज काडून तांचे धनी आपयताले. ताचे फुडले घोडे. तांकां घेवन तांचे मदींच येताले. थंयच म्हजें अर्दवर गेलें. म्हाका सॉलीड भूक लागिल्ली. पावलें सकयल कशें कशें करून. थंय पळयल्यार सगळीं गेम खेळटात. उपरांत पांयाक बी मालीश केली. कांय भुरग्यांनी पोरूच्यो गजाली सांगल्यो. मागीर एकदाचो च्याचो वेळ जालो. सांज जाली. मागीर हांव विशू, करिश्मा आनी हिरू इस्पिकांनी खेळ्ळी कृष्णा सर येतकच भुरग्यांचे ग्रूप केले. तातूंत हांव, प्रज्ञा, कपील, स्मीता आनी अनिश आसलीं. सरान आमकां एक प्रस्न केलो. तुमी फुडल्या जल्मा कोण जावंक सोदतात? कोणें सांगलें पक्षी कारण सगळ्याक भोंवपाक मेळटा. हांवें सांगलें म्हाका एका झोपडपट्टीन जी चारूय वटेन हिमालयाक पळयता तातूंत हांव जल्माक येवंक सोंदता. ती मजा करूंक जाय. मागीर मदींच कोणें भुताच्च्यो काणयो सांगपाक सुरवात केली. काणयेंत बरी गुल्ल जाल्लीं इतल्यात कोणेंतरी सांगलें, जेवणाक सुक्या बांगड्याची किसमूर मेळटली. अंम... अंम... सगळ्यांनी आंवडे गिळ्ळे. कारण सदांच बटाट्याची भाजी खावन आमकां वीट आयिल्लो. किसमुरे वांगडा रुचीन जेवलीं आनी कॅम्प फायराक वचून बसलीं. थंय आनीकय भुताच्च्यो गजाली जाल्यो आनी रातीं मागीर सपनांय पळयलीं तीं भुताचींच. आयज डोमा कडसून चौकी असो एक ल्हानसो ट्रॅक आशिल्लो. मागीर थंयच्यान गाडयेंत बसून कासोलाक वचपाचें आशिल्लें. तशेंच जालें. गाडयेंत आमी पोरणीं पदां म्हणलीं. कसोलाक पावली त्या दिसा हांवें म्हज्या तोंडाची दशा पळयली. माकोड कशें जाल्लें हांव. म्हाका नाका कडेन करपून मिशी कशी जाल्ली. थंय उदक पियेवंक गेल्लें तेन्ना आमच्या

सांगाताक आशिल्ले एके गुजराती चलयेकडेन इश्टागत केली. आमी वतात थंय थंय तांचो ग्रूपय येतालो. आमी तेन्ना खूब गजाली केल्यो. थंय रामाचें देवूळ आसलें. मागीर हून उदकाचें तळें पळयलें. त्या दिसा आमच्या सरान आमकां फुकट जेवण दिलें. रातच्यो मात गजालीच गजाली. सोंपचनात. तें गुजराती चलीय आमच्या सांगाताक गजालींक बसलें. हांव ताचेकडेन उलयता म्हूण हेर वांगडीय थंय बसले. राती न्हिदतना मात म्हाका पयलीं म्हज्या शेणिल्ल्या पयशांची याद जाली आनी मागीर मम्माचीय खूब याद जावपाक लागली. न्हिदिल्लेकडेन सपनांत मम्मा मम्मा म्हणून हांवें म्हज्या इश्टिणीक वेंग मारली खंय.

मनाली आनी अमृतसर

सगळ्यांनी आपापलीं बॅगां पॅक केलीं. इतल्यात श्वेता भाभी म्हाका येवन विचारपाक लागली, 'युगा तुजे पयशे शेणल्यात? आतां आनी हांव कितें सांगूं. कारण म्हाका त्या दिसा पेडणेचे चलयेन म्हणलें, 'तू कॅरलेस'. म्हाका दिसलें भाभीय म्हाका तेंच म्हणटली. तरी हांवें म्हणलें हय. तेन्ना तिणें सांगलें ते सकयल पडिल्ले ते तिका मेळिल्ले. हांव विचारतलें म्हूण राविल्ली ती, पूण विचारूंक ना न्हय म्हूण दिले. जावं एकदांचें जिवाक सूऽऽ जालें. कारण म्हजेकडेन दवरिल्ले जाल्यार आनी एकदां शेणपाचे. भाभीकडेन उरले म्हूण सेफ तरी उरले. आतां मनाली वचपाचो वेळ जालो. आमी थंय दोन वरांनी पावलीं. थंय आमी शॉपिंगाक गेलीं. व्हडलें कांय घेतले ना. लाकडाच्यो की चेनी घेतल्यो. जेवण मात त्या दिसा फस्र्ट क्लास. म्हणजे चिकन तंदुरी, व्हॅज फ्रायड रायस. रुमार वचून बॅगां बी घेवन आमी सकयल देंवलीं. तेन्नाच सरान रसगुल्ला घेतले. हांवें तर चार-पांच हात मारून पयलींच काबार केले आनी हेरांक दाखोवन चाळयत खाले.

अमृतसर

अमृतसराक वचपाक भायर सरलीं. देड दीस लागलो. पूण सामकें नाका जालें रे देवा. पयलीं सगळ्यांची बॅगां बशींत वयर घालीं. वाटेर व्हडलो पावस पडलो आनी सगळीं बॅगां सकयल हाडलीं. आमी बस भाड्याक घेतल्या म्हूण तरी ताणें हेर पॅसेंजरांक घेवपाचे न्हय. तो पिसो ड्रायव्हर कसोच आयकना. म्हणूंक लागलो लोकांक घेना जाल्यार आपल्याक शिर्विसेंतल्यान काडटले. घे मागीर मनशांची गर्दी, वयल्यान सामानांची गर्दी आनी मागीर ते गर्देंत आमी न्हिदतलीं आनी कितें? रातभर जागीं.

दनपरां पावलीं. आमकां 'रूपा इंटरनॅशनल लॉजिंगांत' दवरलें. तीग जाणांक एक रूम. एक टीव्ही. व्हडली खाट. वा! काय बऱ्यो गादयो. मोव-मोव. हांव खाटीर कुशीकच न्हिदलें. सामकें सुस्त. बरी न्हीद जाली आं. त्या दिसा कोण खंयच वचूंक ना. फकत खा खा खालें आनी मागीर न्हिदलीं.

दुसऱ्या दिसा आमी न्हावन धुवन 'गोल्डन टँपल' पळोवपाक गेलीं. शी. सॉलीड, खऱ्यांनीच. लोक वाहे गुरू म्हणटाले. आमच्याय तोंडांतल्यान वाहे गुरू उतरां भायर सरपाक लागलीं. आपशींच. देवूळ बरे तरेन सजयलां. ते लोक देवाचे इतले भक्त. पूण शिस्त ना. देवाक पाया पडपाक एकामेकांक धुकलतात आनी मुखार सरतात. पांयां पडटा म्हणसर दुसरो आंगार पडटा. ही कसली प्रार्थना. धुकलाधुकलींतल्यान देव पळोवंकच मेळ्ळोना सारको. आतां वागा बॉर्डरीक वचपाचें. थंय पावलीं आनी आमी खुब्ब मजा केली. थंय खुबूच गर्दी आशिल्ली. थंय स्टेज आसा. तिचे दोन वांटे केल्ले. एक दादल्यां खातीर, एक बायलां खातीर. पयलीं भारताचो बावटो हातांत घेवन पाकिस्तान बॉर्डरीकडेन वचपाचें आनी परते धावत येवन दुसरे कडेन बावटे दिवपाचो. मागीर बायलां खातीर नाचपाच्यो कार्यावळी जाल्यो. तातूंत आमीय वांटो घेतलो. नाच नाच नाचलीं. जीव तोडून नाचलीं. नाचतकच तांचे मार्चिंग सुरू जालें. मर्दी मर्दी मुखार आशिल्लो शिपाय म्हणटालो वंदे मातरम्, भारत माता की जय! आनी मागीर आमीय व्हडल्यान ती घोशणा दिताले. निमाणें 'राष्ट्रगीत' जालें आनी कार्यावळ सोंपली. मागीर आमी गेटीकडेन गेलीं. गेटी आलतडी हिन्दुस्तान आनी पलतडी पाकिस्तान.

लॉजांत परतलीं. खूब दिसां उपरांत आयज सरान आमकां बिर्याणी खावयली. ती रात बरी गेली. दुसऱ्या दिसा आमकां सांगलें ब्रेकफास्टाक आमलेट नाजाल्यार पुरी भाजी मेळटली. आमलेट कोणें खाली तांकां बरें पडलें कारण जांणी कोणें पुरी भाजी ऑर्डर केल्ली तांका मेळ्ळीच ना. तातूंत हांवूय आसलें. उपरांत आमकां दनपार मेरेन जाय थंय भोंवपाक वचून येयात म्हूण सांगलें. कारण मागीर आमकां ट्रेनींत बसून वचपाचें आशिल्लें. येतना बस ड्रायव्हरान आमकां गरजेभायर त्रासांत घाल्लें

आनी न्हिदूंक पसून मेळूंक नाशिल्लें.

मागीर हांव, करीश्मा, विशू, हिरू, रामकृष्ण आनी ताचो भाव मेळून भोंवपाक गेलीं. थंय ल्हानशें म्युझियम आनी एक बाग आशिल्लीं. तें सगळें पळोवन आमी परतलीं. थंय जेवण मात आमकां सामकें पचकें मेळ्ळें. व्हॅज पुलाव. तो म्हाका जाल्यार पचलोच ना. वतना मात हांवें आनी हिरून थारायिल्लें, बरी लस्सी पियेवची. आनी खऱ्यांनीच आमी पांच ग्लास लस्सी पियेलीं. मागीर सगळीं स्टेशनार वचपाक भायर सरलीं.

ट्रेनींत व्हडली मजा आयली ना. मदीं निखील आनी सबनीला मदीं दोळ्यांतल्यान दुकां काडपाची सर्त कशी लागली. दोगूय दुकां काडीत आसले. निमाणे निखील जिखलो. एकदांचीं दिल्ली पावलीं.

दिल्लींत आमकां खासदार श्रीपाद नायकाच्या बंगल्यांत दवरलें. त्या दिसा जेवण म्हणजे चण्याचे तोंडाक आनी स्लायस ब्रेड. दुसऱ्या दिसा आमकां भायर व्हरपाचें आशिल्लें. वचून आयलीं. सगळ्याक बॅस्ट आशिल्लें. रातच्या जेवणांत बांगडो मेळ्ळो.

दुसऱ्या दिसा सोमार आशिल्लो. त्या दिसा जाय थंय भोंवपाक मेळटालें. आमीं सगळ्यांत पयलीं पालिका बाजारांत गेलीं. भोंवलीं. कांय वस्तू घेतल्यो. मागीर मॅट्रो पळोवपाक गेलीं. म्हज्या आयुश्यांत मॅट्रो हांव पयलेंच फावट पळयतालें. थंय आमी मज्जाच केली. कार्ड काडून मशिनाक लायलें काय मॅट्रोचें दार उक्तें जातालें तेन्ना भितर धांवत वचपाचें, स्लो गेलीं जाल्यार भितर आडकतलीं कशें दिसतालें. मॅट्रोंतली मजा करून आमी परत बाजारांत भोंवूक गेलीं. परत मॅट्रोंत चड-देंवपाची मजा केली आनी परतीं पालिका बाजारांत गेलीं. थंय निमाणें शॉपिंग केलें. दनपरां मात आमी सोमार पाळ्ळो ना. आमी सगळीं आठ जाणां

युगा नंदकिशोर आडारकार

- सध्या डी. एम. सी. हायरसेकेंडरीत बारावी कला शाखेंत शिकता.
- सुनापरान्त, जैत, बिम्ब, कोंकणी, कोंकण टायम्स अंकानी साहित्य प्रकाशीत.
- कवितेखातीर सुनापरान्त, कविता ट्रस्ट मंगळूर, बार्देस कोंकणी अस्मिताय केंद्र, नेहरू युवा केंद्र, अनघा वाचासुंदर प्रतिशठान तशेच शाळा, हायरसेकेंडरीनी इनामा.
- कविते बरोबर कथा आनी ललित लेखनाची आवड. नाटकात अभिनय करपाक आवडता